**Panaji regional news 14 March 2026,7.20pm**

NITIAayog वित्तीय भलायकी निर्देशांक 2026 त गोंयचो क्रमांक पयल्या 10 कामगिरी करपी राज्यां मदीं दुसऱ्या नंबराचेंर आसा. महसूल उरिल्लें अर्थसंकल्प आनी एफआरबीएम नेमा भितर शिस्तबद्ध अर्थीक वेवस्थापन, भौतिक मुळाव्या साधनसुविधांचो मुखेल गुंतवणूक - रस्ते, जोडणी, पर्यटन आनी शार उदरगत,शिक्षण, भलायकी आनी कुशळटाय हातूंत केंद्रीत गुंतवणूक करून मनीस मुळावी बांदावळ घटमूट करप,भौशीक साधनसंपत्तीचो इष्टतम वापर करपा खातीर कार्यक्षम महसूल एकठांय करप आनी बरे शासन,स्वयंपूर्ण गोंयांतल्यान समाजांक सशक्त करप आनी विककसित गोंय खातीर रोड मॅप तयार करप ह्या निकसाचेरं गोंय ह्या पळोवणत दुसऱ्या नंबराचेंर पावला. ह्यानपयली गोंय राज्य संबंधित निखसाच्या दाराचेंर तिसऱ्या नंबराचेंर आशिल्ले. ₹30,195 कोटी खर्च आनी ₹1,666 कोटी महसूल उरिल्लो विक्सित गोंय अर्थसंकल्प 2026-27, घटमूट उदरगत आनी जबाबदार अर्थीक वेवस्थापन , सरकारान अर्थीक विवेकबुद्द तिगोवन दवरून सगळ्या वटांनी उदरगतीक गती दिवपा खातीर निर्णायक पावलां उबारल्यांत अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी खोस उक्तायना म्हणला. नितीआयोगाच्या नियाळाप्रमाण ओडीसा राज्य पयले, गोंय आनी ढारखंण्ड दुसऱ्या नंबराचेंर, गुजरात महाराष्ट्र, छत्तीसगढ , तलेंगणा,उत्तर प्रदेश, कर्नाटका तीसऱ्य बनंबराचेर, मध्य प्रदेश, हरयाणा, बिहार, तामिळनाडू , राजस्थान चवछ्या नंबराचेंर, जाल्यार केरळ , पश्मिम बंगाल, आंद्र प्रदेश, आनी पंजाब पाचव्या ह्या निमण्य. नबंराचेंर आसात.नीती आयोग वित्तीय भलायकी निर्देशांक 2026 (एफएचआय 2023-24) हातूंत गोंयान तिसऱ्या क्रमांकांतल्यान सुदारणा करून 18 मुखेल भारतीय राज्यां मदीं दुसरें स्थान मेळयलें. ५४.७ गूण मेळोवन राज्याक exceptional revenue mobilasation करप, नियंत्रीत रिणाची पातळी आनी घटमूट अर्थीक शिस्त हांचे खातीर मान्यताय ह्या निकसावरवी गोंय राज्य दुसऱ्य नंबराचेरं पावला.

## गोंयांक शिक्षणाचे केंद

गोंयांक शिक्षणाचे केंद करपाच्य नदरेतल्यान राज्य सरकार काम करता. केंद्र सरकाराच्या मजतीन गोंयांत artificial intelligence , renewable energy, bio - science, digital education, health infrastructure मळार आम्ही महत्वाचे बदल करुंक शकले. ह्या मळाक लागपी साधन सुविधात केंद्र सरकाराच्या आदारान महत्वाचे नाविन्यपुर्वक बदल जाल्यात अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.गोंयात अर्थिक मळाक स्वावलंबी करताना, टॅकक्नोलॉजीच्य बाबतीन लेगीत स्वावलंबी करपाच्या नदरेतल्यान सराकर काम करता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

## मुख्यमंत्री डी.लीट पदवी

टीळक महाराष्ट्र विद्यापीठ 44 व्या दीक्षांत समारोहांत मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांकां स्वयपुंर्ण गंय उपक्रम येसस्वीरित्या चालीक लायिल्लयाखातीर डीलीट ही पदवी दिल्या. पुण्यांतल्या तिलक महाराष्ट्र विद्यापीठच्या 44व्या दीक्षांत सुवाळ्यांत मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांकां प्रतिश्ठीत मानाची विद्यानिधि पदवी दिली. एकावेळार दुसऱ्या राज्याचेंर निंबुन आशिल्ले गोंय राज्यांक शेतकी, पिकावळ , भाजयो, फुला, दुंद, ह्या सगळ्याचेंर स्वत स्वयंपुर्ण कशी करप ह्य दिखेन हो उपक्रम सरकरान चालीक लावपाचो येवजीलो आनी २ वर्साभितर ह्या उपक्रमाक उपाट प्रतिसाद मेळ्ळो ही पदवी आनी भौमान स्विकारतना आपम गोयकारांक तशेंच हो उपक्रम येसस्वीपणान चालीक लायिल्लया प्रसासकीय धिकाऱ्यांक हाचे श्रेय दिता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. कोरोना काळ हो जरी म्हामारीचो काळ आसलो तरी लेगीत तातुंन स्वयपुर्ण जावपाची मोठी शिकवण गोंय सरकारान घेतली आनी आत्मनिर्भर भारत जातना गोंयाकं स्वयंपुर्ण कपाच्या दिखेन काम सुरु केले अशी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. मखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांच्य सयत पर्यटन मळार बरी कामगिरी करपी उद्देजक म्हण हमेंत

ओबराय आनी खण वेवसायिक महेश्वर रेड्डी हांक ह्या दिक्षांत सुवाळ्यात डीलीट ही पदवी दिल्या.

**MOU**

गोंयची शेतकी निर्यात करपाचे दिकेन गोंय शेतकी उत्पादन आनी पशुधन विपणन मंडळ (जीएपीएलएम) आनी जीएमआर विमानतळ लिमिटेड, मोपा हांचे मदल्या एमओयूचेर मानादीक मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतायेखाला कबलात जाल्या.हे भागीदारी वरवीं Agricultural and Processed Food Products Export Development Authority.मानकां प्रमाण गोंयच्या उत्पादनांचें ग्रेडींग, पॅकेजींग आनी निर्यात करपाक आदार दिवपा खातीर मोपा हांगाच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार आधुनीक पॅक हाऊस आनी शेतकी रसद सुविधा विकसीत करतले अशी म्हायती मुखएलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. हाका लागून शेतकार आनी वेपाऱ्यांक बाजारांत प्रवेश मेळटलो, कापणी उपरांतचें लुकसाण उणें जातलें, शेतकी वेवसायांक नवी संद मेळटली अशें तांणी सांगलें.स्वयंपूर्ण गोंयच्या दृश्टीकोना खाला शेतकारांक सशक्त करप, तांची येणावळ वाडोवप आनी घटमूट शेतकी मोल साखळी तयार करपाच्य नदरेतल्यान हो महत्वपुर्ण निर्णय आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

## गॅस सिलिंडर पुरवण सुरळीत

गोंयांत गॅस सिलिंडर मुबलक प्रमाणांत उपबल्ध आसात. पूण लोक भियेवन सिलिंडर साठोवपाक लागिल्ल्यान ही समस्या जाल्या. सिलिंडर डिलर्सांक पुरवण सेगीत सुरू आसा आनी वेवसायीक सिलिंडर दिवप सुरू जाला, अशी म्हायती नागरी पुरवण खात्यातल्या अधिकाऱ्यान दिली. सिलिंडराचो फावो इतलो सांठो आसा आनी गॅस डिलर्सांक दिसाक १ ते २ सिलिंडराच्यो गाडयो सिलिंडराच्यो येतात. लोक भियेवन सिलिंडर घेवपा खातीर गर्दी करतात म्हण ही समस्या मुखार आयल्या, अशें अधिकाऱ्यान सांगलें. वेवसायीक सिलिंडराक आयज सावन गॅस सिलिंडर दिवपाक सुरवात जावन तांकां २० टक्के कोटा सद्या त दिला. ह्या कोटांत ल्हव-ल्हव वाड

जातली. पुराय गोंयांत वेवसायीक आनी घरगुती दोनय सिलिंडर उपलब्ध आशिल्ल्यान सिलिंडरा खातीर घरपोच सेवा लेगीत आतां सुरू जाल्ल्याचें, अधिकाऱ्यान सांगलें. सिलिंडर वेवहाराचेर पाळत दवरपा खातीर नागरी पुरवण खात्यान सगळ्या वितरकांच्या कचेरीत  एक अधिकारी नियुक्त केला.

**बाल आनंद मेळाव**

कुर्टी फोंणेंच्या दादा वैद्य हायस्कूल शाळेखाला कार्यरत आशिल्ल्या कुर्टी उच्च शाळा समूहाचो बाल आनंद मेळावो आयज जालो. कुर्टी खांडेपार पंचायतीचे सरपंच नावेद तहसीलदार हांच्या हस्तुकी या बाल आनंद मेळाव्याचे उद्घाटन जाले. उद्घाटन सुवाळ्याक श्री अमेय उच्च माध्यमिक विद्यालयाचे अध्यक्ष श्री संदीप खांडेपारकर, दादा वैद्य हायस्कूलच्या मुख्याध्यापिका सुषमा पाटील, उपमुख्याध्यापक सुशांत उजगावकर तशेंच कुर्टी शाळा समुहाच्यो सचीव शिक्षिका उषा टेंगसे हाजीर आशिल्यो. कुर्टी शाळा समूहाचे काम बरें चललां आनी विद्यार्थ्यांचो सर्वांगीण विकास जाता अशे नावेद तहलीसदार हांणी आपल्या उलोवपात सांगलें. दादा वैद्य हायस्कूल शाळा समुहाच्या १०० विद्यार्थ्यनी ह्या कार्यावळींत वाटो घेतलो.